कला अकादमी गोंय

GOLDEN JUBILEE YEAR
1970-2019
50
KALA ACADEMY GOA

# कोंकणी नाट्यस्पर्धा

## नेम आनी अटी



# कोंकणी नाटयस्पर्धा

## नेम आनी अटी

**कला अकादमीच्या नाटयस्पर्धेंत वांटो घेवपी संस्थांक सकल दिल्ल्या नेमांक पाळो दिवचो पडटलो.**

(१) १८६० च्या संस्था रजिस्ट्रेशन कायद्याखाला ज्यो संस्था रजिस्टर जाल्ल्यो आसात आनी ज्यो संस्था कला आनी संस्कृतीच्या मळार काम करतात तांकांच कोंकणी नाटक स्पर्धेंत वांटो घेवपाक मेळटलो. खंयच्याय शाळेक आपल्या नांवान वा शिक्षण संस्थेच्या नांवान वांटो घेवपाक मेळचोना. **पुण एकाद्रया शिक्षण संस्थचो खासा कला विभाग संस्था रजिस्ट्रेशन कायद्याखाला स्वतंत्रपणान रजिस्टर जाल्लो आसत जाल्यार त्या विभागाच्या नांवान वांटो घेवपाक मेळटलो. रजिस्टर जाल्ल्या संस्थांक दरेक पांच वर्सांनी रजिस्ट्रेशनाचें नूतनीकरण करप कायद्याखाला गरजेचें आसा हें मतींत धरचें. तशें नूतनीकरण केल्ल्याचें प्रमाणपत्र प्रवेश अर्जावांगडा दिंवचें पडटलें. नेमांप्रमाण संस्था नोंदणी केल्ल्याचे वो नूतनीकरण प्रमाणपत्र ना दिल्यार स्पर्धेंत वांटो घेवपाक मेळचोना.**

(२) ही स्पर्धा फकत गोंयांतल्या संस्था आनी कलांकारांखातीरच आशिल्ल्यांन गोंयांभायल्या संस्थांक तशेंच कलाकारांक तांतूत वांटो घेवपाक मेळचोना. खंचाय संस्थेन तेविंशीं तक्रार केल्यार संबंदित कलाकारांचे सक्षम प्राधिकरणान दिल्ले अधिकृत वळखपत्र वा तत्सम/समकक्ष दस्तावेजाची प्रत संस्थामुखेल्याक अकादमीच्या मागणेप्रमाण सादर करची पडटली. हो नियम मोडलो अशें सिध्द जाल्यार संबंदित संस्थेचेर फावो ती कारवाय करतले.

(३) स्पर्धेत वांटो घेवपाखातीर करपाचो अर्ज (प्रवेशिका) जाहीर केल्ल्या मुजतींतच छापील प्रवेशपत्रिकेचेर अकादमीच्या कचेरेंत दिवचो पडटलो.

(४) प्रवेश अर्जांत दिवपाची पुराय माहिती स्पर्धक संस्थेक दिवची पडटली. अर्दकुटी माहिती दिल्लो आनी मुजतीभायर आयिल्लो अर्ज नाटयस्पर्धेखातीर घेवचेनात. खंचोय अर्ज कारण न दिता स्विकारप वो न्हयकारपाचो पुराय अधिकार कला अकादेमीन आपलेकडेन राखून दवरला.

(५) ही स्पर्धा कोंकणी भाशेंतल्या नाटकांपुरतीच मर्यादित आसतली. नाटयस्पर्धेखातीर उण्यांत उण्यो पांच प्रवेशिका येवप गरजेच्यो आसात. ना जाल्यार स्पर्धा जावचींना. असो प्रसंग उप्रासलो जाल्यार वांटेकार जाल्या संस्थांची अनामत रक्कम परत दितले.

(६) स्पर्धेंतल्या नाटकांचो अनुक्रम चिटयो काडून थारयतले. ताचेउप्रांत प्रवेशिका फांटी घेवपाक १० दिसांची मुजत आसतली. हे मुजतींत नाटकाची संहिता वो नाटकाचे नांव बदलू येता. मात हे मुजती उप्रांत खंयचोच बदल मानून घेवचेनात. तशेंच ह्या काळांत खंचाय संस्थेंक आपली प्रवेशिका फांटी घेवपाक मेळटली तशेंच तांका अनामत रक्कम परत दितले. पुण ह्या मुजतीउप्रांत प्रवेशिका फांटी घेतल्यार अनामत रक्कम परत दिवचेंनात. मागीर कला अकादमी पुराय तारीकवार कार्यावळ जाहीर करतली ती कार्यावळ सगळयांक बंदनकारक आसतली.

(७) स्पर्धेखातीर प्रवेशिका दितना संस्थेचें नांव, नोंदणी क्रमांक, तारीख, नाटकाचें, संस्थेचें आनी लेखकांचे नांव, फोन नंबर अशी फावो ती म्हायती दिवप गरजेचें आसतलें. पुण उरिल्ली म्हायती निर्धारित नमुन्यातल्यो चार प्रती आनी संहितेच्यो दोन प्रती नाट्यप्रयोगाच्या दिसा सांजे ४.०० वरांमेरेन कला अकादमीत पावीत करपाची जापसालदारकी स्पर्धक संस्थेची आसतली. संहितेच्यो प्रती टंकलिखीत वो सुवाच्च हातबरपावळीन (legible handwriting) आसच्यो पडटल्यो.

(८) स्पर्धक संस्थेन प्रवेश अर्जावांगडा पांचशें रुपया (रु.५००/-) प्रवेशिका फी भरची पडटली. तेचपरी स्पर्धेंत वापरतल्या अकादमीच्या सामानाची आनी प्रयोग माचयेर हाडपाची हमी म्हण स्पर्धेत वांटो घेवपी दरेक संस्थेक आपल्या प्रवेश अर्जावांगडा रु.५०००/- (पांच हजार रुपया फकत) अनामत रक्कम म्हण कला अकादमीकडेन दवरची पडटली. स्पर्धेच्या कार्यावळीप्रमाण थरिल्ल्या दिसा आपलो नाटयप्रयोग केलो ना जाल्यार ही अनामत रक्कम संस्थेक परत दिवचे नात. स्पर्धेत वांटेकार जाल्या संस्थेक नाटयप्रयोगाउप्रांत त्या संस्थेकडल्यांन अकादमीच्या सामानाचें कसलेंय नुकसान जालेंना जाल्यार अनामत रक्कम संस्थेक प्रयोग सोपल्याउप्रांत परती मेळटली. संस्थेकडल्यान अशी कसलीय नुकसानी जाल्यार, ताची भरपाय अनामत रकमेंतल्यान वजा करुन घेतले आनी ह्या नुकसानींचो आंकडो अनामत रक्कमेपरस चड आसल्यार ती रोखडीच दिवपाची पुराय जापसालदारी स्पर्धक संस्थेची आसतली.

(९) स्पर्धेत वांटो घेवपी संस्थेक ताणी थारायिल्लें नाटक मुळावें वा अणकारीत आसा तेचप्रमाण ताचो मूळ बरोवपी, मूळ नाटकाची भाशा हे स्पश्ट रितीन प्रवेशिकेवांगडा बरोवन कळवचें पडटलें. नाटक एकाद्रया कथा, कादंबरी आनी हेर साहित्यप्रकाराचेर आदारिल्लें आसल्यार तसो स्पश्ट उल्लेख प्रवेशिकेंत करचो पडतलो.

(१०) संस्थेन वेचिल्ले नाटक नवीन आसल्यार वो खासा स्पर्धेखातीर बरयिल्लें तशेंच अणकरीत/रुपांतरीत आसल्यार तसो स्पश्ट उल्लेख प्रवेश अर्ज तशेंच हेर पत्र वेवारांत करचो पडटलो. ल्हान भुरग्यांची नाटकां (बालनाटय) वा संगितिका स्विकारचेनात.

(११) नाटकांत वांटो घेवपी सगल्या कलाकारांची त्या पात्रांप्रमाण पुराय नांवा, प्रवेशिकेवांगडा दिल्ल्या रकान्यांत दिवचीं पडटलीं. तेचप्रमाण नाटकाचे बरोवपी, दिग्दर्शक, माचये मांडावळ, उजवाडा येवजण, वेशभूशा, रंगभूशा, ध्वनिसंकलन आनी हेर जबाबदारी सांबाळटल्या सगल्या कलाकारांची नांवाय ताचेवांगडा दिवचीं पडटली, दिग्दर्शन, माचये मांडावळ, उजवाडा येवजण, ध्वनिसंकलन, वेशभूशा, रंगभूशा, लेखन ह्या पारितोषिकांखातीर वळेरींतल्या कामा खातीर दिल्लें पयलें नांवच पारितोषिक/प्रमाणपत्र दितना ग्राह्य धरतले. स्पर्धेतलें खंयचेंय इनाम वांटून दिवचेनात.

**इनामां आनी प्रशस्तीपत्रांखातीर कलाकारांची पुराय आनी खरीं नावां वळेरींत दिवपाची पूराय जापसालदारकी स्पर्धक संस्थेचेर आसतली. एकदां जैतवंतांचे इनामाचे रकमेचे चेक आनी प्रशस्तीपत्रां दिल्याउप्रांत तातूंत बदल करपाखातीरच्यो मागण्यो मानून घेवचेनात. ते नदरेन स्पर्धक संस्थेन आपल्या कलाकारांच्या नावांची वळेरी दितना पुराय खबरदारी घेवची.**

(१२) कला अकादमीन निश्चीत केल्ल्या कार्यावळी प्रमाण स्पर्धक संस्थांक आपापले प्रयोग सादर करचे पडटले. सादरीकरणाचो अनुक्रम एकदा थरयिल्याउप्रांत तांतूत कसलोच बदल करचेनात.

(१३) गोंयकार लेखकान खासा स्पर्धेखातीर बरयिल्ल्या तशेंच अणकारीत/रुपांतरीत केल्ल्या संहितेक परिक्षकांच्या शिफारशीवेल्यान लेखनाचे इनाम मेळटले. कोंकणी नाटकाची संहिता ही देवनागरी लिपयेंत आसची पडटली. हेर लिपयेंतल्यो नाट्य संहिता स्वीकारचेनात. संहितेत कितेंय आक्षेपार्ह बरपावळ आसल्यार भौशिक हिताचे नदरेंतल्यान अकादमीकडल्यांन सुचवणी केल्याउप्रांत स्पर्धेतल्या नाटकांतलो कांय लिखित मजकूर वा कांय उतरां काडून उडोवचीं पडटली. तेसंबंदी कला अकादमी जो निर्णय दिता तो स्पर्धक संस्थेचेर बंधनकारक आसतलो.

(१४) कला अकादमीच्या नाटक स्पर्धेत एक फावट वांटो घेतिल्ल्या संस्थेक वा कलाकारांच्या पंगडाक तेंच नाटक त्याच वांगडयांक घेवन पयलींच्याच वा दुस-या खंयच्याय संस्थेच्या नावांन स्पर्धेत सादर करपाक मेळचेंना. तेचप्रमाण अकादमीच्या स्पर्धेत एक फावट वैयत्तिक अभिनयाखातीर इनाम फावो जाल्ल्या कलाकाराक दुसरे फावट स्पर्धेत त्याच नाटकांत तीच भूमिका करुंक मेळचीना. हेसंबंदी कला अकादमीचो निर्णय अंतिम आसतलो.

(१५) स्पर्धक संस्थेच्या नाटकाक लागतलो वेळ मध्यंतरासकट दोन वरां परस उणो आनी तीन वरांपरस चड आसचो न्हय. मध्यंतर कमीत कमी १० मिनटां वो चडांत चड १५ मिनटांचे आसतलें. एका नाटकांत दोन मध्यंतरांपरस चड मध्यंतरां घेवंक मेळचीनात. दोन मध्यंतरा घेतल्यार दोनूय मध्यंतरांचो एकूण अवधी १५ मिनटांपरस चड आसचे न्हय.

(१६) स्पर्धक संस्थेन सादर केल्ल्यार वळेरेंतल्या खंच्याय कलाकाराक (तंत्रज्ञासयत) खंच्याय एकाच संस्थेक तशेंच एकाच नाटकांत वांटेकार जावपाक मेळटले.

**नाटकांत काम करतल्या कलाकारांची वळेरी अकादमीलागी धाडतगीच तांतूत खंयचोय बदल करुंक मेळचोना. खंयच्याय आकस्मिक कारणाखातीर नावांत बदल करचो पडल्यार तेविशीं अकादमीक कळोवन लिखीत मान्यताय घेवची पट्टली. त्यासंबंदात अकादमीचो निर्णय संस्थेक मानचो पट्टलो.**

(१७) गोंयांतल्या वो गोंयांभायल्या खंयच्याय व्यक्तीचें मार्गदर्शन, दिग्दर्शन, संस्थेच्यांन घेंव येतां. पूण अशा व्यक्तीचो कलाकारांच्या नावांचेवळेरेंत उल्लेख करपाक मेळचोना तशेंच अशा व्यक्तींचो/व्यक्तीचो विचार इनामाखातीर करचे नात.

(१८) स्पर्धेच्या नाटकांत दादल्यांनी बायलांची आनी बायलांनी दादल्यांची कामां करप हें मान्य करचेनात. पुण नाटकाच्या संहितेप्रमाण तशी भूमिका करप गरजेचें आसल्यार तेप्रमाण परिक्षक मानून घेतले. पूण हे संबंदी परीक्षक मंडळाचो निर्णय अंतिम आसतलो.

(१९) स्पर्धेंत आस्पाव जाल्ले संस्थेक प्रयोगाखातीर अकादमीचेवतीन रंगमाची उजवाडा-येवजण, ध्वनियंत्रणा हांची सुविधा मेळटली ती अशी........

(१) ६ जनरल लायट्स
(२) १० पार लायट्स
(३) एक हजार क्षमतेचे २० स्पॉट लायट्स
(४) सायक्लोराम आनी दोन सोलर्स
(५) ८ मायक
(६) मुखेल (फुडलो) आनी फाटलो पड्डो, कुशीच्यो तरफो (विंग्स्)
(७) चडांत चड १६ प्लॅटफॉर्मस् (उपलब्धतेप्रमाण)-हेसंदर्भात कला अकादमीचो निर्णय अंतिम आसतलो.

एकाद्रे संस्थेक आपल्या नाटकाखातीर वयल्या सामानाभायर वेगळी वेवस्था जाय पडटा जाल्यार ताचो खर्च ते संस्थेन करचो पडटलो. वयल्या सामानाभायर चडावत सामान संस्थेक दिवपाची जाबाबदारी कला अकादमी घेवचीना. रंगवण, न्हेसवण आनी खाशेलें नेपथ्य हांचीय वेवस्था आनी खर्च स्पर्धक संस्थेक करचो पडटलो. नाटकाखातीर भाडयांन मेळपी सामान कला अकादमीकडेंन आसलें जाल्यार ते

खातीर प्रयोगाच्या उण्यांत उणे आठ दीस आदीं भाडयाचे पैशे भरुन सामान राखून दवरपाक मेळटलें, तेभायर भायलें सामान हाडपाची गरज उप्रासल्यार स्पर्धक संस्थेन तें आपल्या खर्चान हाडचें पडटलें. अकादमीकडेंन आदीं पैशे भरुनय जर प्रयोगाच्या वेळार तें सामान वापरलें न जाल्यार भरिल्लें भाडें संबंदीत संस्थेक परत मेळूंयेता. पुण तेखातीर प्रयोगाच्या दुस-या दिसाभितर मागणीपत्र दिवचें पडटलें, नाजाल्यार ते पैशे दिवपाची जापसालदारकी कला अकादमीचेर नासतली. कला अकादमीच्या दिनानाथ मंगेशकर मंदिर सभाघराखेरीज हेर खंच्याय सभाघरांत नाटक सादर करतना थंय उपलब्ध आशिल्ल्यो साधनसुविधा सहभागी संस्थांक मेळटल्यो. संबंदित संस्थांक कांय खासा साधनसुविधांचो गरज पडल्यार त्यो उपलब्ध करुन दिवपाची जापसालदारकी कला अकादमीची आसची ना हाची नोंद घेवची.

(२०) स्पर्धेतल्या नाटकाचें चित्रिकरण करपाक स्पर्धक संस्थेच्या लेटरहेडीचेर नाटकाचे लेखक, दिग्दर्शक हांची लेखी परवानगी जोडून एका दूरचित्रवाणी कॅमे-यांन चित्रिकरण करपाक मेकळीक आसतली. तेखातीर चित्रिकरण करपी तंत्रज्ञाचो(कॅमेरामन) फोटो, नांव, पत्तो आनी हेर तपशीलवार म्हायती दिवन अकादमीची लेखी संमती घेवची पडटली. अकादमीच्या लेखी परवानगीउप्रांतच चित्रिकरण करपाक मेळटलें. सदर चित्रिकरण करतना नाटयगृहांतल्या पळोवप्यांक, परिक्षक तशेंच आयोजक हांका कसलोच आडमेळ/त्रास जावचो ना, हाची पुराय जापसालदारकी कॅमेरामन आनी संस्थेचेर आसतली. अकादमीक दिसल्यार खंयच्याय वेळार चित्रिकरण बंद करपाचो अधिकार अकादमीकडे उरतलो.

(२१) प्रवेशिका दितना रंगमाचयेर आनी माचयेफांटल्यान वावुरपी सगळया तंत्रज्ञ आनी हेर कलाकारांची पिराय १८ वर्सां पुराय जाल्ली आसूंक जाय. पूण जर १८ वर्सासकल एकाद्रा तंत्रज्ञाचो रंगमाचयेफांटल्यान वावर जावो पडल्यार सहभागी संस्थेन त्या तंत्रज्ञाचो फोटो, नाव, अणभव इ. म्हायती सादर करुन लेखी मान्यताय घेंवची पडटली नाजाल्यार तो नेमभंग थारतलो.

(२२) स्पर्धेतल्या नाटकाचे, स्पर्धेपयलीं पाचांपरस चड प्रयोग केल्ले आसपाक जायना पूण तशी अधिकृत तक्रार सहभागी संस्थेक पुराव्यासकट करची पडटली. ताची खातरजमा करुन तक्रार सिध्द जाल्यार तें नाटक स्पर्धेतल्यान बाद थारायतले.

(२३) प्रवेशिका फांटी घेवपाखातीर १० दिसांची दिल्ली मुजत जालेउप्रांत प्रवेशिका फांटी घेतल्यार संस्थेन भरिल्ली अनामत रक्कम (रु.५०००/-) परत दिवचेनात. प्रवेशशुल्क खंयचेय संस्थेक परत दिवचेनात. तारीकवार कार्यावळ थरल्याउप्रांत तातूंत कसलोय बदल मानून घेवचेनात खंयचो बदल जावप म्हळयार प्रवेशिका रद्द समजतले आनी तेप्रमाण कार्यवाही जातली. स्पर्धेत प्रयोग सादर करपाच्या तारकेच्या १० दिस आदीं स्पर्धेंतलें नाटक फांटी घेतलें जाल्यारुय संबंदीत संस्थेची अनामत रक्कम दंड म्हण जमा करची पडटली. तशेंच संबंदीत संस्थेक पांच हजार रुपया (रु.५०००/-) वेगळो दंड भरचो पडटलो. हो दंड निर्धारीत मुजतींत भरलो ना जाल्यार या संस्थेक तीन वर्सांखातीर कला अकादमीच्या सगळया स्पर्धांनी वांटो घेवपाक अपात्र थारायतलें. मात असो निर्णय घेतना कला अकादमीच्या नाटयविशयक सल्लागार समितीकडेन भासाभास करतले. समितीन घेतिल्लो निर्णय सदर संस्थेचेर बांधनकारक उरतलो.

(२४) नाटकाच्या बरोवप्याक मानधन दिवपाची आनी ताची लिखीत मान्यताय मेळवपाची जबाबदारी स्पर्धक संस्थेचेर आसतली. तेविशीं कसलोच गैरप्रकार जाल्लो अकादमीच्या नदरेक आयल्यार त्या संस्थेक, कलाकारांक आनी तंत्रज्ञांक कला अकादमीच्या खंच्याय स्पर्धेंत फुडल्या एक वर्सांमेरेन वांटो घेवपाक मनाय आसतली. स्पर्धक संस्थेन खंयच्याय वाडमयचोरप केल्लें दिसल्यार त्या संस्थेखातीर जाहीर जाल्लो पुरस्कार वा इनामां फाटी घेवपाचो अधिकार कला अकादमीन राखून दवरला.

(२५) स्पर्धेचें नाटक चालू आसतना खंयच्याय संस्थेच्या मनशांनी तातूंत मुद्दाम आडमेळे हाडिल्ले अकादमीच्या नदरेक आयल्यार त्या संस्थेक/कलाकारांक/तंत्रज्ञाक हेर खंच्याय अकादमीच्या नाटय स्पर्धेत दोन वर्सांमेरेन वांटो घेवपाक मेळचोना.

(२६)नाटकांतले कलाकार सोडून बॅक स्टेजीर चडांतचड धा (१०) तंत्रज्ञ/सहाय्यकांक प्रवेश दितले.

(२७) स्पर्धेंतल्या नाटयप्रयोगावेळार संस्थेंक चडांतचड दोन टन वजनाच्यो वस्तू रंगमाचयेर व्हरपाक मेळटले.

(२८) अ) दरेक नाटक पळवणा-यांखातीर कला अकादमीच्या नेमाप्रमाण प्रवेशशुल्क (गेट फी) आकारतले. अशेंतरेन केल्ल्या तिकिट विक्रींतल्यान आयिल्ल्या पुराय रकमेच्या ८० टक्के रक्कम स्पर्धक संस्थेक दितले आनी २० टक्के रक्कम कला अकादमी आपणांकडेन दवरतली. ही रक्कम चडांतचड जांवची हे नदरेन संस्थेंक परस्पर तिकिटविक्री करपाक मेकळीक आसतली. पुण तेखातीर स्पर्धक संस्थेंन आपल्या नाटकाच्या तारखेच्या चडांतचड आठ दीस पयलीं कला अकादमीकडल्यांन छापिल्लीं चडांतचड ५० टक्के तिकिटां व्हरपाक मेळटली. आनी नाटकाच्या दिसा सांजे ४.०० वरांमेरेन कला अकादमीकडेन तिकिटांची पुस्तिका आनी पुराय हिशोब अधिकृतपणांन दिवचो पडटलो. स्पर्धेंतल्या दरेक नाटयप्रयोगाचे कांय सीट परिक्षक आनी हेर पावण्यांखातीर अकादमी राखून दवरतलीं.

ब) नाटकाचे कलाकार आनी सहाय्यकांखातीर एके गाडयेचे आनी माची मांडावळ, उजवाड येवजण आनी हेर सामानाची हाड-व्हर करपाखातीर(नाटकाची तशी गरज आसल्यार) आनी एका उक्तें गाडयेचे रोख भाडें मेळटलें. एक बंद वाहन (टेम्पो) आनी एक उक्तें वाहन (टेम्पो) तेखातीर दरेक किलोमिटरांफांटल्यान कला अकादमीन निर्धारित केल्ल्या भाडे दराप्रमाण मुख्य कार्यालयासांवन ते सर्तीच्या जाग्यामेंरेन प्रवास खर्च दितले. ह्या खर्चाची रक्कम संस्थेच्या छापिल्ल्या पावती बुकावेल्यान आगाऊ दिवन (Pre-Receipt) संस्थेक आपणालो अध्यक्ष, सेक्रेटरी वा खजिनदार हांतल्या कोणेय एकल्यान घेवची पडटली. स्पर्धक संस्थांक फावो जाल्ली रक्कम (प्रवासखर्च अनामत रक्कम) ८०% टक्के तिकीटविक्रीचो वांटो NEFT पदद्तीन संबंदित संस्थेच्या खात्यार जमा करतले तेखातीर सर्तीक वांटो घेवपी सगल्या संस्थानी आपापल्ल्यो बँकखात्याविशींचो सगळो तपशील अकादेमीकडेन दिवचो पडटलो.

(२९) कला अकादेमी ही संघटनात्मक तशेंच वेवस्थापकीय स्वरुपाची संस्था आशिल्ल्यांन आनी नाटय स्पर्धेचो स्वतंत्र निर्णय परिक्षक मंडळान दिवपाचो आशिल्ल्यांन अकादमीतल्या मनशांक वा तांच्या संस्थांक स्पर्धेंत वांटो घेवपाक कसलीच हरकत नासतली.

(३०) स्पर्धेंतलीं सगली इनामां दिवचीं कांय ना हेविशींचो निर्णय परिक्षकांच्या शिफारशीवेल्यान कला अकादमी थारायतली.

(३१) स्पर्धक संस्थेक आपल्या नाटकाच्या दिसा संबंदीत सभाघर दनपारा २.०० वरांसावन हेल्पर आनी तंत्रज्ञासैत मेळटले. नाटयप्रयोग सांजे ७.०० वरांचेर सुरु जातलो. मात जर खयंचेय स्पर्धक संस्थेन सभाघर सकाळी १०.०० वरासावन जाय आसत जाल्यार तशें अधिकृत पत्र निमणी कार्यावळ जाहीर केल्याउप्रांत ७ दिसांभीतर अकादमीकडेन दिवचें पडटलें. मात सकाळी १०.०० वरांचेर सभाघर दिवन संबंधित संस्थेन ताचो उपयोग करुक ना अशें दिसून आयल्यार संबंधित संस्थेची अनामत रक्कम जप्त करतले. काय कारणाखातीर सभाघर १०.०० वरांचेर दिवप शक्य जाले ना तर संस्थेन पाळो दिवचो.

(३२) स्पर्धेंतलें नाटक सोपल्याउप्रांत दोन वरांभितर सगली रंगमाची खाली करुन दिवपाची जबाबदारी त्या त्या संस्थेची आसतली. ताचे उप्रांत रंगमाचयेर वा थेटरांत आशिल्ल्या संस्थेच्या सामानाची कसलीय जापसालदारकी कला अकादमीचेर नासतली. संस्थेन हाडलेले सगळे सामान कागदांसयत व्हरचे पडटले. कचरो कोयर सांडून दवरलो जाल्यार रु.५०००/- दंड लागतलो कला अकादमीच्या खंयचेंय वण्टीक खिळो पासून मारुंक मेळचोना तशेंच कला अकादमीच्या वास्तूक खयसरुय हातोडे मारुक मेळचे ना. तशें नदरेक आयले जाल्यार संस्थेक रु.१०,०००/-दंड भरचो पडटलो.

## <u>३३. स्पर्धेंतलीं इनामां</u>

**<u>प्रयोगाखातीर (सादरीकरणाचें)</u>**

| | |
|---|---|
| पयलें इनाम | **रु. १,००,०००/-** |
| दुसरें इनाम | **रु.७५,०००/-** |
| तिसरें इनाम | **रु.५०,०००/-** |
| **<u>उमेद वाडोवपी इनाम</u>** | **रु.२५,०००/-** ✻ |

**<u>✻ धापरस चड नाटका स्पर्धेंत सादर जाल्यारुच रु.२५,०००/- ची दोन उमेद वाडोवपी इनामां दितले.</u>**

**दिग्दर्शनाखातीर-**

| | |
|---|---|
| पयलें इनाम | **रु.१०,०००/-** |
| दुसरें इनाम | **रु.७,०००/-** |
| तिसरें इनाम | **रु.५,०००/-** |

**वैयक्तिक अभिनयाखातीर (पुरुष)**

| | |
|---|---|
| पयलें इनाम | **रु.७०००/-** |
| दुसरें इनाम | **रु.५०००/-** |

**वैयक्तिक अभिनयाखातीर (स्त्री)**

| | |
|---|---|
| पयलें इनाम | **रु.७०००/-** |
| दुसरें इनाम | **रु.५०००/-** |

| | |
|---|---|
| **माचये मांडावळीखातीर** | **रु.५०००/-** |
| **वेशभुशेखातीर** | **रु.५०००/-** |
| **उजवाडा येवजणेखातीर** | **रु.५०००/-** |
| **रंगभुशेखातीर** | **रु.५०००/-** |
| **पार्श्वसंगीताखातीर** | **रु.५०००/-** |

**लेखनाखातीर (खासा स्पर्धेखातीर बरयिल्ल्यो नविन संहिता)**

| | |
|---|---|
| पयलें इनाम | **रु.१०,०००/-** |
| दुसरें इनाम | **रु.७,०००/-** |
| **खास स्पर्धेखातीर अणकारित/रुपांतरीत केल्ल्या संहितेखातीर इनाम** | **रु.१०,०००/-** |
| **इनामांची वट्ट रक्कम** | **रु.३,७३,०००/-** |

(३४) स्पर्धक संस्थेन नाटकांत वांटो घेवपी कलाकारांची पुराय नांवा आनी तांची भूमिका हेसंबंदान म्हायती दितना कलाकारांची टोपणनांवा वा फट नांवां दिवची न्हंय. संस्थेन दिल्ल्या कलाकारांच्या नांवांच्या वळेरेविशीं कांय दुबाव दिसल्यार त्या कलाकारांविशींची फावो ती खातरजमा वा पुराय तपासणी करपाचो अधिकार कला अकादमीन आपणांकडेन राखून दवरला. जर खंयच्याय संस्थेन हो नेम पाळलो ना जाल्यार त्या संस्थेक फुडलीं दोन वर्सां हे स्पर्धेंत वांटो घेवपाक मेळचो ना, तेचपरी स्पर्धेंत वांटो घेतिल्या वर्सांची इनामां आनी प्रशस्तीपत्रां दिवचेनात.

(३५) स्पर्धेखातीर अकादमी परिक्षक मंडळ नेमतली आनी ह्या परिक्षक मंडळाचो निकाल स्पर्धक संस्थांचेर पुराय बंदनकारक आसतलो. स्पर्धक संस्थेंक वा संस्थेलागीं संबंदित आशिल्ल्या खंयच्याय व्यक्तीक ह्या निकाला विरुध्द जाहीरपणान मतप्रदर्शन करपाक मेळचेंना. तेचपरी स्पर्धेच्या निकालाविशीं कसलोच पत्रवेवार कला अकादमी करची ना. हो नियम न पाळपी तशेच निकालासंदर्भात तक्रार/पत्रवेवार करपी वो भौशिक माध्यमांतल्यान टिका-टिंपणी करपी सहभागी पंगड/कलाकारांचेर फावो ती कारवाय करतले.

(३६) ह्या नेमाविशीं खंच्यायपध्दतीचो दुबाव उप्रासल्यार कला अकादमीच्या अध्यक्षांचो तेविशींचो निर्णय अंतिम आनी सगळयांचेर बंदनकारक आसतलो.

(३७) ह्या नेमांत स्पर्धेच्या खंयच्याय पावण्याचेर फेरफार करपाचो पुराय अधिकार कला अकादेमीन आपणाकडेन राखून दवरला. असो फेरफार केल्यार तो स्पर्धक संस्थांचेर बंदनकारक आसतलो.

**********

# कोंकणी नाटयस्पर्धा

## प्रवेशिका

## वर्स–२०______

प्रति,
वांगडी सचिव,
कला अकादमी गोवा
पणजी–गोवा–४०३००१

महोदय,
कला अकादमीन आयोजित केल्ल्या कोंकणी नाटयस्पर्धेंत वर्स–२०___ वांटो घेवपाखातीर आमी ही प्रवेशिका दितां.

संस्थेचें नावः________________________________________

पुराय पत्तोः ________________________________________

________________________________________________

फोन नं. १)अध्यक्षः ____________ २) सचिवः ____________ ३)उपाध्यक्ष ____________

संस्थेचो नोंदणी क्रमांक आनी तारीकः ________________________

नूतनीकरणाची तारीकः ____________ (नूतनीकरण केल्ल्या प्रमाणपत्राची छायाप्रत जोडप गरजेचें)

नाटयस्पर्धेंखातीर थरयिल्लें नाटकः________________________________

बरोवप्याचें नावः________________________________________

नाटक अणकारीत/रूपांतरित आसल्यार मूळ नाटक/साहित्यप्रकाराचे नांवः ____________

भासः_______________ बरोवपीः ____________________________

नाटक खासा स्पर्धेंखातीर बरयलां? हय/नाः____________________________

प्रवेशशुल्क आनी अनामत रक्कमेचो पावती क्रमांकः _______________ तारीकः ____________

स्पर्धेंचे सगले नेम आमकां मान्य आसात आनी आमची संस्था तांकां पाळो दितली.

संस्थचो शिक्कोः

________________
सय
अध्यक्ष/सचिव

तारीकः______________________ नावः______________________________

✻ही प्रवेशिका दिल्ले मुजतीत आनी अनामत रक्कमेवांगडा कला अकादमी कार्यालयांन पावीत करप गरजेंचें आसा.

कला अकादमी गोवा

# कोंकणी नाटयस्पर्धा

## नाटकासंबंदान म्हायती

वर्स–२० ______

(ह्या तपशीलाच्यो पांच प्रती प्रयोगाच्या दिसा सांजे ४.०० वरांमेरेन कार्यालयांत दिवप गरजेचें आसा)

संस्थेचें नावः ____________________

नाटकाचें नांवः ____________________

बरोवप्याचें नांवः ____________________

नाटक अणकारीत/रूपांतरित आसल्यार मूळ नाटक/साहित्यप्रकाराचे नांवः ____________________

भासः ____________ बरोवपीः ____________

नाटक खास स्पर्धेखातीर बरयलां? हय/नाः ____________________

दिग्दर्शकाचें नांवः ____________ उजवाडा येवजणः ____________

माची मांडावळः ____________ पार्श्वसंगीतः ____________

वेशभूशाः ____________ रंगभूशाः ____________

| कलाकार | भूमिका |
|---|---|
| १) | |
| २) | |
| ३) | |
| ४) | |
| ५) | |
| ६) | |
| ७) | |
| ८) | |
| ९) | |
| १०) | |

नाटयप्रयोगाक लागतलो वेळः __________ मिण्टाः __________ अंकः एक/ दोन/ तीन

मध्यतरांखातीर लागतलो वेळः __________ मिण्टाः __________

स्पर्धेच्या नेमां प्रमाण वयर दिल्ली पुराय म्हायती खरी आसा.

संस्थेचो शिक्कोः

__________
सय
अध्यक्ष/सचिव

तारीकः __________ नांवः __________




Produce by: Kala Academy Goa, Panaji - Goa - 403 001 (INDIA)
Ph.: (0832) 2420451 / 52 / 53 / 54 Fax: 0832 - 2420457
Email: kalaacademygoa@yahoo.co.in Website: kalaacademygoa.co.in

Printed in October 2019